## मुख्यमंत्र्यान मान्सूनपूर्व कामांच्या तयारीचो नियाळ घेतलो

ता. 28 एप्रिल 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज सचिवालयात आयोजीत राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या बसकेत मान्सूनपुर्व कामांच्या तयारीचो नियाळ घेतलो. बसकेत उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आपत्तींक लागून जावपी घडणूकांक प्रभावीपणान तोंड दिवपाखातीर आनी आपत्तीपासून जावपी लुकसाण कमी करपाखातीर आवश्यक पावलां उबारपाची गरज व्यक्त केली. मुख्यमंत्र्यान खास करून बुडून मरण येवपी घडणूकांविशीं हुस्को व्यक्त करून पावसाळ्यात अशो घडणूको घडच्यो न्हय ह्या खातीर आपत्ती वेवस्थापनाच्या सदस्यांनी उपांय सूचोवपाक सांगलें.

ह्या बसकेक महसूल मंत्री श्री अतानासिओ मोन्सेरात, प्रभारी मुख्य सचिव श्री पी एस रेड्डी उपस्थित आशिल्लें.

तरणाट्यांक बुडून मरण येवपाच्यो घटना घडत आसा आनी त्या खातीर तरणाट्यांचो मोलादीक जीव वाचोवपाखातीर लोकजागृताय करपाखातीर संबंधित विभागांनी उपाययेवजणो करपाक पावलां उबारपाची गरज आशिल्याचे मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

चक्रीवादळ, पूर, भूस्खलन, उजो लागप अशा आपत्तींपासून जीव आनी मालमत्तेचे रक्षण करपाखातीर 'आपदा मित्रां' कडल्यान जावपी प्रयत्नांची तोखणाय करून मुख्यमंत्र्यान 'आपदा मित्रांक' प्रोत्साहन दिवपाची गरज व्यक्त केली आनी संबंधित अधिकाऱ्यांनी ह्या गजालीकडेन लक्ष दिवपाक सांगलें. तशेंच "आपदा मित्र" म्हूण आपखोशेन नोंदणी करपाक प्रेरणा दिवप आनी तांकां आवश्यक प्रशिक्षण दिवपाक सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी रोकडोच मान्सून सुरू जावपाचो आशिल्ल्याचो सांगून पावसाळ्यातल्या आपत्तींक आनी धोक्याच्या प्रसंगाक तोंड दिवपाखातीर सगळें तरेचे सहकार्य करपाचे उतर दिले. तशेंच तांणी कृशी आनी गोरवां सांबाळ विभाग आपत्ती वेवस्थापनाच्या कक्षेत हाडपाचोय आदेशा दिलो, जेणे करून ह्या क्षेत्रांत जावपी लुकसाणीची भरपाय आपत्ती वेवस्थापनांवीन करपात येतली. मुख्यमंत्र्यांन उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयाक पावसाळ्यातल्या आपत्तींक तोंड दिवपाखातीर आवश्यक आशिल्ली सगळीं यंत्रणा तयार दवरपाचोय आदेश दिलो.

मुख्यमंत्र्यान भौशीक बांदकाम खाते, उदकास्त्रोत खाते आनी जिल्हाधिकाऱ्यांक पावसाळो सुरू जावचे पयली भूस्खलन प्रवण क्षेत्रांची पळोवणी करून ते रोखपाखातीर आवश्यक पावलां उचलपाचो आदेश दिलो.

बसकेत नियंत्रण कक्ष उबारप, पूर्वसूचोवणी यंत्रणां उबारप,  व्हाळ, गटारांतलो गाळ काडप, महामार्ग आऩी हेर रस्त्यांक तेकून आशिल्ली धोकादायक झाडां कापप, रस्त्यालागीची कामां बंद करप, पूरग्रस्तांच्या मदतीखातीर उपाययेवजण अशां साबार  विशयांचेर चर्चा जाली.

बसकेक सरकारी सचिव, दक्षिण गोंय आनी उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी, वेगवेगळ्यां खात्यांचे मुखेली आनी राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाचे वरिश्ठ अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

ताचे पयली महसूल सचिव श्री रमेश वर्मा उपस्थितांक येवकार दिलो आनी  मान्सूनपुर्व तयारी आनी आपत्ती वेवस्थापन संबंधित  समस्यांविशीम म्हायती दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/304

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji